21th August 2025 सकाळी - 8.40

## आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा

### मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करपाखातीर, फाल्या बिहार आनी अस्तंत बंगालात वतले.
- दिवाळी आनी छठ पूजे निमतान, 12 हजार खासा रेल्वे चलोवपाची घोशणा, रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी केल्या.
- बल्गेरियांत जाल्ले 19 वर्सां सकयल्या, संवसारीक कुस्ती 2025 सर्तींत, भारतीय कुस्तीपटू तपस्यान, देशांचे पयलें भांगरा पदक जिखलें.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज, गुजरातात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

पीएम -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करपाखातीर, बिहार आनी अस्तंत बंगालात वतले. गया आनी दिल्ली हांचे मदीं अमृत भारत एक्सप्रेस, आनी वैशाली आनी कोडरमा हांचे मदल्या, बौध्द सर्किट रेल्वेक ते बावटो दाखयतले. 6 हजार 880 कोटी रुपयांच्या खर्चान पुराय जाल्ल्या, 660 मेगा वॅट बक्सर थर्मल पॉवर प्लांटाचें उक्तावण, प्रधानमंत्री करतले. भलायकी मुळाव्या साधनसुविधेक उर्बा दितना, ते मुजफ्फरपूरांतल्या होमी भाभा कॅन्सर हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्राचें उक्तावण करतले. नमामी गंगे कार्यावळी खाला, प्रधानमंत्री मुंगेर हांगा, 520 कोटी रुपयां परस चड खर्चान बांदिल्ल्या, Sewerage Networkचें उक्तावण करतले. तशेंच सुमार 1 हजार 260 कोटी रुपयांच्या शारी मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांची बुन्याद घालतले.

अश्विनी वैष्णव विशेष गाडी - 90

दिवाळी आनी छठ पूजे निमतान, 12 हजार खासा रेल्वे चलोवपाची घोशणा, रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी केल्या. बिहारातल्या एनडीएच्या फुडाऱ्यांकडेन, चर्चा केल्या उपरांत, तांणी ही घोशणा केल्या. लोकांच्या प्रवास गरजे विशीं, राज्य फुडाऱ्यां कडेन चर्चा केल्या उपरांत, मंत्रालयान फकत नव्यो गाडयोच न्हय तर हेर जायत्यो येवजण्यो आनी मुळावे साधनसुविधां प्रकल्प तयार केल्यात, अशें तांणी सांगलें. सामान्य वर्गांतल्या प्रवाशांच्या सोयी खातीर दिल्ली आनी गया, सहरसा आनी अमृतसर, छपरा आनी दिल्ली तशेंच मुजफ्फरपूर आनी हैदराबाद हांकां जोडपा खातीर, चार नव्यो अमृत भारत गाडयो सुरू करतले, अशेंय मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.

Shah - 30

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी, काल लोकसभेत जम्मू आणि काश्मीर पुनर्रचना (सुधारणा) विधेयक, २०२५ सादर केले. जे विद्‌यमान जम्मू आणि काश्मीर पुनर्रचना कायदो, २०१९सात आनीक सुधारणा घडोवन हाडटले.

(Byte – Amit Shah)

Tanawde - 70

राज्यसभेचे वांगडी सदानंद शेट तनावाडे हांणी काल, नवी दिल्लींत केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया हांचे वांगडा बसका घेतली. हे बसकेंत ताणी उत्तर गोंयांतल्या दिवचल हांगाच्या, मुळगांवात 150 खाटींचें ईएसआयसी हॉस्पिटल स्थापन करपाचे गरजेवीशी, राज्यसभेत केल्ल्या खाशेल्या उल्लेखाचेर भर दिलो. बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पाची मंजुरी, निविदा आनी बांदकाम नेटान पुराय जावचे, जाका लागून उत्तर गोंय

जिल्हयांतल्या कामगारांक गरजेच्यो भलायकी सेवा मेळूंक शकतल्यो, अशी विनवणी ताणी ह्या बसकेंत केली.

Gaming - 170

इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी संसदेत, ऑनलाइन गेमिंगचो प्रचार आणि नियमन विधेयक, २०२५ सादर केले. हे विधेयक ई-स्पोर्ट्स आणि ऑनलाइन सोशल गेम्सांक प्रोत्साहन दिता. आनी हानिकारक ऑनलाइन मनी गेमिंग सेवा, जाहिराती आणि ते संबंधित आर्थिक व्यवहाराचेर बंदी घालता. विधेयक मांडताना, इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हणले की, फाटल्या ११ वर्षांत डिजिटल तंत्रज्ञान क्षेत्रात प्रचंड वाढ जाल्या. डिजिटल तंत्रज्ञान क्षेत्रात खुपशे स्टार्ट-अप काम करता. ऑनलाइन मनी गेमिंगाक लागुन समाजात गंभीर चिंता निर्माण जाल्या, कारण ते व्यसन निर्माण करता जाका लागुन आर्थिक फसवणूक आणि लुकसाण जाता. ऑनलाइन मनी गेमिंगाक लागुन खुपशा कुटुंबांक आर्थिक संकटाचो फुडा करचो पडला. वैष्णव हाणी सांगले, की खुपशो ऑनलाइन गेमी, मनी लाँड्रिंग आणि दहशतवादी वित्त पुरवणेत लेगीत सामील आसात. फाटल्या ३१ महिन्यांत ऑनलाइन मनी गेमिंगाक लागुन, ३२ आत्महत्या जाल्यात. या विधेयकात ई स्पोर्ट्स, ऑनलाइन सोशल गेम्स आणि ऑनलाइन मनी गेम्स, अशे तीन विभाग आसात. सरकार ई स्पोर्ट्स आणि ऑनलाइन सोशल गेम्स क्षेत्राक प्रोत्साहन दिवंक इच्छिता. गेम डेव्हलपर्साक तेको दिवपाक, एक प्राधिकरण स्थापन करतले, अशेंय मंत्री वैष्णव हाणी सांगले.

(Byte - Vaishnav)

**BREAK**

जयस्वाल - ८५

नवी दिल्लीन सांगले, की भारत हेर देशांविरुद्ध, भारतीय भूमीवेल्यान राजकीय कारवायो करपाक परवानगी दिना. बांगलादेशच्या अंतरिम सरकारान, जारी केल्या खबरा निवेदनावेल्या माध्यमांच्या प्रश्नांक जाप दितना, विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी म्हणले की, भारत सरकाराक भारतातल्या अवामी लीगच्या सदस्यां कडच्यान बांगलादेश विरोधी कसल्योय कारवायो वा भारतीय कायद्याच्या विरुद्ध आशिल्या कसल्याय कृतीची माहिती ना. ताणी म्हणले की, बांगलादेशच्या अंतरिम सरकारान दिले निवेदन चुकीचे आसा. लोकांची इच्छा आणि जनादेश निश्चित करपाक, बांगलादेशात बेगीनात बेगीन मुक्त, निष्पक्ष आणि समावेशक वेचणुको जातल्यो, अशी अपेक्षा भारतान परतुन उक्तायली.

'अग्नि ५' - 40

भारतान ओडिशातल्या चांदीपूर हांगा, एकात्मिक चाचणी केंद्रावेल्यान मध्यम पल्ल्याच्या बॅलिस्टिक क्षेपणास्त्र 'अग्नि ५' ची यशस्वी चाचणी केली. संरक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात सांगले की, या प्रक्षेपणान सगळ्या ऑपरेशनल आणि तांत्रिक बाबींची पडताळणी केली. हे प्रक्षेपण स्ट्रॅटेजिक फोर्सेस कमांडच्या मार्गदर्शनाखाला केला.

UIDAI - 90

भारतीय विशिष्ट वळख प्राधिकरणांन (UIDAI) खाजगी उपग्रह आदारीत, इंटरनॅट सेवा पुरवणदार स्टारलिंक हांचे वांगडा, आधार आदारीत गिरायक पडताळणीखातीर सहकार्य केलां. एका निवेदनात, इलेक्ट्रॉनिक्स आणि आयटी

मंत्रालयान म्हणला, की जागतिक उपग्रह इंटरनेट प्रदात्यावरवी आधार प्रमाणीकरणाचो वापर, भारताच्या डिजिटल मुळाव्या सुविधांची विश्वासार्हता दर्शयता. पारदर्शकता आणि जबाबदारी सुनिश्चित करताना, आधार सेवा वितरणात नावीन्य कशे सक्षम करू शकता, हाचेर हे सहकार्य भर दिता. आधार कार्डाक, जगपाची सोय आणि व्यवसाय करपाच्या सुलभतेचे उत्प्रेरक म्हणून संबोधित करताना, मंत्रालयान म्हणला, की आधार क्रमांक धारकांखातीर वापरपाच्यो सोयी आणि फेस ऑथेंटिकेशन सोल्यूशन, आता वेगान जाता.

वेवस - 90

मेलबर्नातल्या वर्ल्ड ऑडिओ व्हिज्युअल अँड एंटरटेनमेंट समिट बाजारात, एक डिजिटल बी२बी मार्केटप्लेस सुरू केला. थंयच्या भारतीय वाणिज्य दूतावासान एका सोशल मीडिया पोस्टात म्हणला की, या उपक्रमाक लागुन ५० परस अधिक भारतीय आणि ऑस्ट्रेलियन चित्रपट निर्माते, ४६५ परस बसकां खातीर एकठाय येतले. जाकालागुन सह-निर्मिती, गुंतवणूक संधी, जागतिक वितरण संबंध आणि महत्त्वाच्या ज्ञानाच्या देवाण घेवाणीचो मार्ग मेकळो जातलो. मेलबर्नात वेव्हज बाजार सुरू केल्यान, शीम हुपुन सर्जनशील पूल मजबूत जातलो. ह्या कार्यवळीत राष्ट्रीय चित्रपट विकास महामंडळ आणि राष्ट्रीय चित्रपट आणि ध्वनी संग्रह ऑस्ट्रेलिया हांचेमदीं, चित्रपट सादरीकरण आणि अभिलेखागार विनि-मयात सहकार्याखातीर, एक आशयपत्रार सय जाली.

कुस्ती - 100

बल्गेरियांत जाल्ले 19 वर्सां सकयल्या, संवसारीक कुस्ती 2025 सर्तीत, भारतीय कुस्तीपटू तपस्यान, देशांतलें पयलें भांगरा पदक जिखलें. काल तपस्यान, बायलांच्या 57 किलो वजनाच्या फायनलींत, नॉर्वेच्या फेलिसिटास डोमा-जेवाचेर 5

आड 2 अशी हार घाली. बायलांच्या 68 किलो विभागांत फायनलींत, भारताची श्रुती हिणें रुप्या पदक जिखलें.  मजगतीं, प्रिया मलिक आनी रीना आपापल्या गटांत फायनलींत पावली. दादल्यांच्या विभागांत सुमित मलिकाक 57 किलो वजनांत, रशियेच्या मागो-मेद ओद्झा-मिरो कडच्यान 5 आड 8 अशी हार खावची पडली आनी ताका रुप्या पदकाचेर समाधान मानचें पडलें. आतां मेरेन भारतीय कुस्तीगीरांनी सर्तींत, तीन पदकां जिखल्यात, तातूंत एक भांगरा आनी दोन रुप्या पदकांचो आस्पाव आसा.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज, गुजरातात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला. आयज सौराष्ट्र आनी कच्छ वाठारांत एकसुरे सुवातेर, मोठ्या प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलें. फुडले दोन ते तीन दीस, महाराष्ट्र आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांत पावसाचो अदमास आसा. तशेंच ह्या म्हयन्याचे 22 तारखे मेरेन बिहार, चत्तीसगड, राजस्थान, झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, उत्तराखंड, कोंकण आनी गोंयात व्हडा प्रमाणात पावस पडपाची, शक्यताय आसा. फुडले तीन दीस जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, बिहार, झारखंड, ओडिशा, तेलंगना, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत जगला आनी वादळी वारेंसंयत, गडगड मारपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यान सांगलां.

(Byte – Jenmani)

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करपाखातीर, फाल्या बिहार आनी अस्तंत बंगालात वतले.

- दिवाळी आनी छठ पूजे निमतान, 12 हजार खासा रेल्वे चलोवपाची घोशणा, रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी केल्या.

- बल्गेरियांत जाल्ले 19 वर्सां सकयल्या, संवसारीक कुस्ती 2025 सर्तींत, भारतीय कुस्तीपटू तपस्यान, देशांचे पयलें भांगरा पदक जिखलें.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज, गुजरातात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, रेड अलर्ट जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार